२१-०२-२०२५

सकाळी : ७.२५

प्रादेशिक खबरो :

एलडीसी भरती: 185

काय उमेदवारांची प्रमाणपत्रां परतून तपासतले एलडीसी भरती खातीर घेतिल्ले सीबीटी-2 परिक्षे उपरांत कांय उमेदवारांची प्रमाणपत्रां परतून तपासतले. परतून तपासणी खातीर ह्या उमेदवारांक नोटीसींत सांगिल्लीं प्रमाणपत्रां सादर करचीं पडटली. नोटीस जारी केल्ल्या उमेदवारांनी प्रमाणपत्रां सादर करूंक ना जाल्यार फुडले सीबीटी परिक्षे खातीर तें अपात्र थारतलें अशें कर्मचारी भरती आयोगान स्पश्ट केलां.

नोटीसींत उमेदवाराचें नांव सादर करपाक आवश्यक आशिल्लें प्रमाणपत्र नमूद केलां. गरजेची म्हायती आयोगाच्या संकेतथळार आसा. एलडीसी पदा खातीर सीबीटी-2 परिक्षा घेवन आयोगान निकाल जाहीर केला. सीबीटी-3 परिक्षे खातीर पात्रताय वळेरी सीबीटी-2 परिक्षेंतल्या गूणांचेर आदारून तयार करतले. ही वळेरी तयार करचे पयलीं आयोगान कांय उमेदवारांक प्रमाणपत्रां सादर करपाक सांगलां. आयोगान 77 उमेदवारांक अणभव प्रमाणपत्र सादर करपाक सांगलां. ते भायर एक्स सर्वीसमॅन गटांतल्या 84 उमेदवारांनी निवृत्ती वा सेवेंतल्यान मुक्त केल्ल्याचे प्रमाणपत्र सादर करप गरजेचें आसा. खेळगडे गटांतल्या 20 उमेदवारांक खेळगडो प्रमाणपत्र (स्पोर्टसमॅन सर्टिफिकेट) सादर करपाक सांगलां. तांच्या प्रमाणपत्रांची तपासणी 24 आनी 25 फेब्रुवारीक सुचोवणेंत सांगिल्ल्या वेळार जातली. हाचे भायर दिव्यांग गटांतल्या 52 उमेदवारांक दिव्यांग प्रमाणपत्र/वैजकी प्रमाणपत्र सादर करपाक सांगलां. दिव्यांग गटांतल्या उमेदवारांनी 25 फेब्रुवारी मेरेन us.gssc@goa.gov.in ह्या ईमेलाचेर प्रमाणपत्र धाडचें अशें सुचोवणेंत नमूद केलां.

नोटीस जारी केल्ल्या उमेदवारांच्या प्रमाणपत्रां संबंदी दुबाव आयिल्ल्यान आयोगान तांकां परतून तपासणी खातीर प्रमाणपत्रां परतून सादर करपाक सांगलां.

म्हाकुंभ मेळो रेल्वे – १९०

म्हाकुंभ मेळया खातीर प्रयागराज हांगा आयज 21 तारखेक तिसरी रेल्वे मडगांव स्टेशनावेल्यान वतली. गोंयातल्यान 1,600 भावीक ह्या रेल्वेंतल्यान म्हाकुंभा खातीर प्रयागराज वतले. रेल्वे मडगाव स्टेशनावेल्यान रातीं 7.40 वरांचेर सुट्टली. समाज कल्याण खात्यांतल्या गोपां कडल्यान ही म्हायती मेळ्ळी.

हाचे पयली दोन रेल्वे गोंयातल्यान प्रयागराज वचून आयल्यात. फुकट रेल्वे सेवेचो लाव 18 ते 60 वर्सां पिरायेच्याच गोंयकारांक मेळटलो. 18 वर्सां सकयल्या आनी 60 वर्सां वयले पिरायेच्या कोणेंय रेल्वेंत चडल्यार तांकां तालांव दितले आनी तांकां

लागसारच्या रेल्वे स्टेशनाचेर देंवयतले. समाजकल्याण खात्या वतीन दिवपी वळखपत्र सक्तीचें आशिल्ल्यान दरेकल्यान स्वताचे जापसालदारकेचेर मुफत रेल्वे सेवेचो लाव घेवचो, अशें समाज कल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी स्पश्ट केलां.

6 फेब्रुवारीक प्रयागराजाक 1,191 प्रवासी गेल्ले. हाचे उपरांत 13 फेब्रुवारीक गेल्ले 1,300 प्रवाशी लेगीत परत गोंयांत पावल्यात. मात कुडचडेंतल्या एका भाविकाक दुयेंसाक लागून मरण आयलें. शीं खूब आशिल्ल्यान स्वेटर तशेंच हेर सामान भाविकांनी हाडपाचें. वताना रेल्वेंत फकत जेवण मेळटले. प्रयागराज ते संगम घांटा मेरेन वचपाक आनी येवपाक मेळून 30 किमी अंतर आसा. हें अंतर चलत वचपाची तयारी भाविकांनी दवरपाक जाय. प्रयागराजाक पावले उपरांत जेवण तशेंच हेर खर्च भाविकांक करचो पडटलो. भाविकांची सुरक्षा, सामान तशेंच भलायकेची जापसालदारकी सरकार घेवचें ना,अशें सरकारान स्पश्ट केलां. कुंंभाक आतां कांय दीस उरिल्ल्यान शाही न्हाण करपा खातीरची गर्दी वाडल्या.

"छावा करमूक्त – ८०

"छावा "हो संभाजी म्हाराजाचेर आधारीत सिनेमा GST करमुक्त करून  सवाय मोलान सीनेमोग्यांक पळोवपाक मेळपाखातीर गोंय सरकारान निर्णय घेतला. संभाजी म्हाराजांचे योगदान, धर्मरक्षणाखातीर तांणी दिल्या बलीदानाची म्हायती आयच्या पिळगेक कळपाक सिनेमा हे प्रभावी माध्यम आसा,ताका लागुन सरकारान हो निर्णय घेतला,हे विशी वित्त खात्यान परीपत्रक जारी केला.

21फ़ेब्रुवारी - 31 मे मेरेन हो सीनेमा गोंयच्या सीनेमा मोग्यांक सवाय तीकीटीचेर पळोवपाक मेळटलो. जाल्यार सीनेमाघरांच्या धनयांक तीकीटीच्या gst चे पयशे सरकार फारीक करतलो.

ह्यानपयली बुधवारा दीवचले शिवजयंतीच्या कार्यावळीवेळार मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी हे वीशीची तांच्या उलोवपात घोशणा केल्ली.

वास्को –

गोंयच्या विंगड विंगड सिनेमा थिटरांनी सध्या सुरू आशिल्लो छावा हों सिनेमा करमुक्त म्हुण जाहिर . केल्ले खातीर मुरगांवचो आमदार संकल्प आमोणकार हाणें मुखेल मंत्र्याचे उपकार आठोवन शाळेच्या भुरग्यां खातीर दिसाक एकतरी शो फुकट दाखोवपाची मागणी आमदार आमोणकार हाणें केल्या.

वास्को हांगा खबराकारां कडेन उलयताना आमदार आमोणकार हाणें म्हळा की देशाचो इतिहास भुरग्यांक आयज फकत पुस्तकातल्यान कळाटा. छत्रपती शिवाजी आनी संभाजी महाराजांचे कार्य फकत पुस्तकातल्यान कळाटा. पुण सिनेमाच्या माध्यमातल्यान तो इतिहास समजून घेवप सोपें वतलें. हाचो विचार करून सरकारान एकतरी शो भुरग्यां खातीर फुकट दवरपाची मागणी आमदार संकल्प आमोणकर हाणें केल्या.

बार्देश म्हालात आयजसांवन सात दीसाखातीर रस्त्यावेल्या बेवारस सुण्यांचे लसीकरण आनी कापाव करपाखातीर खासा मोहीम सरकार चालीक लायता.गोंय पशुसंवर्धन खाते,mission rabbies आनी wvs ह्या बिगर सरकारी संघटनेच्या जोडपालवान  ही मोहीम आयोजित केला अशी म्हायती पशुसंवर्धन खात्याचे मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी दील्या.ह्या मोहीमेवरवी 10-12 हजार

सुण्यांचे लसीकरण जातले अशी म्हायती तांणी दील्या.पर्वरे मंत्रालयात घेतील्या पत्रकार परीशदेत ते उलयताते .ह्यावेळार mission rabbies चे संचालक मुर्गन अप्पुपिल्लय तशेंच WVS चे अधिकारी हाजीर आशील्ले.

1500 कर्मचारी तशेंच आंतरराश्टीय स्वंयसेवक ह्या मोहीमेत वाटो घेतले,जाल्यालंर 32 टीम ही मोहीम चालीक लावपाक काम करतले.लोकांनी ह्या मोहीमेदरम्यान सहकार्य करचे अशे आवाहन मंत्री निळकंठ हळर्णकार हांणी केला.